**शाळांच्या भुरग्यांखातीर कुशळटाय विकास शिबीरांचे आयोजन**

ता. 19 ऑक्टोबर 2021

उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन शाळांच्या भुरग्यांखातीर दिवाळीच्या सुटयेंत ता. 8 ते 13 नोव्हेंबर 2021 मेरेन कुशळटाय विकास शिबीरांचे आयोजन करपात येतले. कुशळटाय विकास शिबीरांत भुरग्यांक टिकात्मक विचार, समस्या सोडोवप आनी हेर सौम्य कुशळटाय शिकयतले आनी त्या खातीर संचालनालयांन कम्प्युटींग मशीनरी असोसिएशन, टाटा कन्सल्टन्सी सर्व्हिसीस, गुगल सीएस एज्युकेशन अशां संघटनाxचे सहकार्य घेतला.

कम्प्युटेशनल थिंकींग स्किल, कोडिंग स्किल आनी कम्युनिकेशन स्किल अशां तीन कुशळटाय कार्यशाळांचे आयोजन करपात येतले.

सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय, खांडोळा-माशेल, सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय, केपे, सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्यालय, सांखळी, सरकारी वाणिज्य महाविद्यालय, बोर्डा-मडगांव, संत सोहिरोबानाथ आंबीये सरकारी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालय, पेडणे आनी धेंपे कला आनी विज्ञान महाविद्यालय, मिरामार-पणजी ह्या केंद्रांचेर कार्यक्रम जातलो.

इत्सुक भुरग्यांच्या पालकांनी कार्यशाळांच्या केंद्र निवडीप्रमाण https://tinyurl.com/m8mpkc6f ह्या लिंकावयल्या अर्जा वरवीं नांवनोंदणी करची वा रामेश्वर कलशावकर ( मो. नं. 9284915197 ) हांचे कडेन कामाच्या दिसांनी सकाळीं 10 ते सांजेच्या 5 वरां मजगती संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/874

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji